# तिरुमल्ला तिरुपती मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह क्रेडिट सोसायटीक कार्यक्षेत्राचो विस्तार करपा खातीर दिल्ली परवानगी /एनओसी रद्द

ता. 3 फेब्रुवारी 2026

सहकारी संस्थांच्या निबंधक कार्यालयान कळीत केला की, तिरुमल्ला तिरुपती मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह क्रेडिट सोसायटी लि. हांका 31/07/2014 आनी 28/06/2018 च्या पत्रांवरवीं तांच्या कार्यक्षेत्राचो विस्तार करपा खातीर आनी गोंय राज्यात 13 शाखो उघडपा खातीर दिल्ली परवानगी/ना हरकत प्रमाणपत्र (एनओसी) गोंय सरकारन तात्काळ रद्द केल्ली आसा.

केंद्रीय सहकारी संस्था निबंधकांनी 24/05/2013 दिसा जारी केल्ल्या परिपत्रका प्रमाण मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह सहकारी संस्था कायदो, 2002 च्या कलम 108 प्रमाण तांच्या प्रादेशीक अधिकारक्षेत्रात कार्यरत आशिल्ल्या मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह सहकारी संस्थांच्या तपासणी खातीर राज्य निबंधकांक दिवपात आयिल्ल्या अधिकारा प्रमाण सहकारी संस्था निबंधक कार्यालय, गोंय हांणी केल्ल्या नियामक छाननी आनी तपासणी उपरांत ही कारवाय केल्या.

तपासणी आनी त्या उपरांतच्या कारवायेत कायदेशीर आवश्यकता आनी नियामक निर्देशांक पाळो दिवक नाशिल्ल्याचे दिसून आयलें. कायद्या प्रमाण लेखा अर्थिक विवरणपत्र सादर न करप, तपासणी प्रक्रियांक सहकार्य न करप, ज्या अटींचेर एनओसी दिल्ली तांचें उल्लंघन करप आनी नोटीस जारी केल्या उपरांत लेगीत सहकारी संस्थांच्या निबंधकांक प्रतिसाद न दिवप वा तांच्या सामकार हजर रावप ना, अशां कारणां खातीर एनओसी रद्द केल्या.

ते खातीर सर्वसामान्य जनतेक सल्लो दिवपात येता की तांणी संस्थेच्या नियामक स्थितीची नोंद घेवची आनी वयल्या संस्थे कडेन कसलोय अर्थिक वेव्हार वा गुंतवणूक करतना योग्य ती काळजी आनी सावधगिरी बाळगुवची. वयल्या संस्थे संबंदी कसलीय कागाळ, वाद वा स्पश्टीकरण आसल्यार संबंदीत व्यक्ती कायद्या प्रणाण योग्य सक्षम अधिकाऱ्याकडेन संपर्क करपाक शकता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/97

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.